# <u>दत्तोपंत ठेंगडी हांच्या उगडासाक  राज्यपालांन आर्गां ओपली</u>

ता. 11 मे 2023

राजस्थानातल्या भारतीय लष्कराच्या पोखरण चाचणी केंद्र वाठारांत 11 मे 1998 दिसा शक्ती-1 अणु क्षेपणास्त्राची  यशस्वी चाचणी केल्ल्या  दिसाच्या उगडासाक भारतात दर वर्सा 11 मे दिसा राष्ट्रीय तंत्रज्ञान दिस मनयतात. आयज राजभवनार आयोजीत कार्यक्रमात  राज्यपाल श्री. पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी भारतीय मजदूर संघ, जनसंघाचे संस्थापक आनी फुडारी   दत्तोपंत ठेंगडी हांची भारताक अणुऊर्जा शक्ती करपाची दूरदृष्टी आनी कार्याचो उगडास करून  तांका आर्गां ओपली.

केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्रालयाच्या दत्तोपंत ठेंगडी राष्ट्रीय कामगार शिक्षण आनी विकास मंडळाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष श्री. विरजेश उपाध्याय हांणी राजभवनार राज्यपालांची  भेट घेवन दत्तोपंत ठेंगडी हांच्या जीवन कार्याचो उगडास म्हूण राज्यपालाक पारिजातकाचे  रोप भेट दिले.

दत्तोपंत ठेंगडी हांच्या  थर्ड वेव्ह ह्या पुस्तकाचो उल्लेख करून राज्यपालान खंयच्याय  राष्ट्राच्या यशाखातीर वैज्ञानिक दृष्टिकोनाची गरज आशिल्ल्याचे म्हणलें.  समाजाच्या फायद्या खातीर सैमीक आनी वैज्ञानिक गजालींचेर आदारीत हिंदू जीणेपद्धत फुडे व्हरपाची गरज आशिल्ल्याचेय तांणी म्हणलें.

भारतीय मजदूर संघाचे राज्य सरचिटणीस श्री के. प्रकाश, दत्तोपंत ठेंगडी राष्ट्रीय कामगार शिक्षण आनी विकास मंडळाच्यो विभागीय संचालक  श्रीमती अरुणा विष्णू वाघ, प्रादेशिक संचालक, दत्तोपंत ठेंगडी राष्ट्रीय कामगार शिक्षण आणि विकास मंडळ आनी शिक्षणाधिकारी  प्रशांत इदवी हांची ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/396

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.